# <u>इमारत आनी हेर बांदकाम कामगारांची नोंदणी प्रक्रिया परतून सुरू करपाचो निर्णय</u>

ता. 31
मे 2021

गोंय इमारत आनी हेर बांदकाम कामगार कल्याण मंडळान इमारत आनी हेर बांदकाम क्षेत्रांतल्या लावधारक कामगारांची नोंदणी प्रक्रिया परत चालू करपाचो निर्णय घेतला. गोंय इमारत आनी हेर बांदकाम कामगार कल्याण मंडळाच्या येवजणांचो लाव घेवपाखातीर इमारत आनी हेर बांदकाम क्षेत्रांतल्या कामगारांनी मंडळाकडेन लावधारक म्हुण नोंदणी करपाक जाय.

मंडळाकडेन लावधारक म्हुण नोंदणी करपाखातीर प्रत्येक कामगारान पिरायेची 18 वर्सां पुर्ण केल्ली आसपाक जाय, पुण 60 वर्सां पुर्ण केल्ली आसपाक जायना. खंयच्याय इमारत आनी हेर बांदकाम क्षेत्रांत आदल्या बारा म्हयन्यांच्या काळांत 90 दीस वा चड दीस काम केल्लो कामगार लावधारक म्हुण नोंदणी करपाखातीर पात्र आसा.

नोंदणीखातीर कामगार निरीक्षकान दिल्लो अर्ज, तीन पासपोर्ट आकाराचे फोटो, मालक वा कंत्राटदार वा नोंदणीकृत संधटना वा क्रेडाई वा कामगार युनियन वा बिल्डराचो दाखलो, पिरायेच्या दाखल्याखातीर शाळा सोडिल्ल्याचो दाखलो, जल्म दाखलो, वाहन चलोवपाचो परवानो, पासपोर्ट, मतदार वळखपत्र, पॅनकार्ड, नॉमीनीचे नाव, आधार नंबर आनी नाते, बांदकाम कामगाराच्या बँक पासबुकाच्या पयल्या पानाची फोटोकॉपी आनी आधारकार्ड आवश्यक आसा.

चड म्हायतीखातीर श्री. विनय एन. नाईक, प्रशासकीय/ नोंदणी अधिकारी वा मेलबा पेरेरा, पालवी प्रशासकीय/ नोंदणी अधिकारी, फोन नं. 0832-2437081, गोंय इमारत आनी हेर बांदकाम कामगार कल्याण मंडळ, कामगार आयुक्ताचे कार्यालय, दुसरो माळो, श्रमशक्ती भवन, पाटो-पणजी हांचेकडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/493

ssued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji